# स्टार्ट-अपांक उर्बा दिवपाक सरकार बांदील आसा- मुख्यमंत्री

ता. ३ जून २०२२

राज्यांत स्टार्ट-अपांक उर्बा दिवपाक पोशक वातावण उपलब्ध करपाखातीर सरकार बांदील आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सेमिनार हॉल, सचिवालय, पर्वरी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात गोंय राज्यांतल्या दर्यादेगांचेर जावपी उल्लंघनाचेर देखरेख दवरपाखातीर गोंय इलेक्ट्रॉनिक्स लिमिटेडान विकसित केल्ल्या ॲपाची पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांच्या उपस्थितीत सुरूवात केल्या उपरांत उलयताना सांगलें. कार्यक्रमात नोंदणीकृत स्टार्ट-अप्सांक प्रमाणपत्रां आनी सुविधांचेय वितरण केलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें  उलयताना राज्याची अर्थवेवस्था वाडोवपात स्टार्ट-अप्सांचो मोठो वाटो आशिल्ल्याचें सांगून, स्टार्ट-अपांक उर्बा दिवपाखातीर सगळ्यां संबंदीतांनी एकवटीत जबाबदारी घेवपाची गरज आशिल्ल्याचें म्हणलें.

राज्यांत मोठ्या प्रमाणांत रोजगार निर्माण करपाखातीर तरणाट्यांक स्टार्ट अपांखातीर प्रोत्साहन दितात. विद्यार्थ्यांक अभियांत्रिकी शिक्षणाखातीर प्रोत्साहन दिवपाक सरकारान अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमांची फी कमी केल्या आनी ताका लागून  राज्यांत चडांत चड  टेक्नोक्रॅट्स निर्माण जावपाक  मदत जातली अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

म्हायती तंत्रज्ञान आनी पर्यटन मंत्री श्री.रोहन खंवटे हांणी आपल्या  भाशणात राज्यांतले नवीन स्टार्ट अप्स तशेंच नवीन उद्देगांक बऱ्यो सुविधा उपलब्ध करून दिवपाक सरकार गंभीर आशिल्ल्याचें सांगलें. गोंयांत नवीन स्टार्ट-अप आनी हेर गुंतवणुकीखातीर सरकार हेर  राज्यांनी आशिल्ल्या सुटसुटीत पद्दतींचो स्वीकार करतले.  स्टार्टअप हे महसूल आनी रोजगार निर्मितीचे नवीन माध्यम जाल्ल्याचें तांणी म्हणलें.

गोंय राज्यांतल्या दर्यादेगांचेर जावपी उल्लंघनाचेर देखरेख दवरपाखातीर गोंय इलेक्ट्रॉनिक्स लिमिटेडान विकसित केल्ल्या ॲपाक लागून नागरिकांक कागाळीं नोंद

करपाक मेळटले. सुरवातीक  पर्यटन विभाग, गोंय पुलीस, दृष्टी, शॅक मालकांक ह्या ॲपाचो फायदो जातलो.

पर्यटन संचालक श्री. निखिल देसाय, इन्फोटेक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवाचे एमडी श्री. विवेक एच. पी.  हांचेय ह्यावेळार भाशण जालें.

गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष डॉ.गणेश गावकर, मुख्य सचीव श्री.पुनीत कुमार गोयल,  पर्यटन सचीव श्री.रवी धवन, माहिती आनी तंत्रज्ञान संचालक श्री.प्रवीण वळवटकर उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/402

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji